19 May 2026 7.20PM

- स्टील उत्पादन करपात भारताचो संसारीक पावंड्याचेर दुसरो नंबर लागता. जाल्यार 2030 मेरेन भारत देश अतिरीक्त 300 मिलियन टन स्टील उत्पादनाची मोख पुराय करतलो अशे मुखएलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.
- संवसारीक अनिश्चितताये़चो तेल आनी वायू क्षेत्राचेर परिणाम जाता तरी गोंयभर पेट्रोल, डिझेल आनी द्रवीय पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) हांची पुरवण आनी वितरण अखंडपणान चालू उरतली अशें तेल कंपनीनी उतर दिलां.
- तिरुमल्ला तिरुपति मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह क्रेडीट सोसायटी लिमिटेडच्या 13 राज्य फांट्यांक सरकारान कार्यकारी परवाने दिल्या अशी म्हायती सहकार मंत्र सुभाश शिरोडकार हंणी दिल्या.
- पणजी महापालिके कडल्यान 2026-27 वर्सा खातीर 107.17 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पाक मान्यताय दील्या

Rashmi- 104

स्टील उत्पादन करपात भारताचो संसारीक पावंड्याचेर दुसरो नंबर लागता. जाल्यार 2030 मेरेन भारत देश अतिरीक्त 300 मिलियन टन स्टील उत्पादनाची मोख पुराय करतलो अशे मुखएलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोजी हांच्या फुडारपणाखाला देश विकसित करतना खनिज मळाक लेगीत सक्षम करपाक केंद्र सरकारान वेगेवगळे उपक्रम राबयल्यात अशे तांणी म्हळा. भारतात संसराकीपांवड्यावेली स्टील उत्दन करपी देश म्हण केंद्र जावपाची क्षमताय आसा अशे तांणी म्हळा.मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत- गलीलूगदलोत मदलालमा दल गीगदल दा 2.0 मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.हया परीशदेत खण उद्देजक, खण मसावेले शास्त्रज्ञ तशेचं हेर जाळवणदारांनी वाटो घेतला. Intergrated steel manufacturing,mineral verification महत्व दित भारत देश खनि़ज वेवसाय करपाक महत्व दिता अशे तांणी म्हळा.

PIB (231)

भारतीय ऑयल कॉर्पोरेशन लिमिटेड, भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड, हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड ह्या भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपनींनी (ओएमसी) नागरिकांक आश्वासन दिलां की सध्या संवसारीक अनिश्चितताये़चो तेल आनी वायू क्षेत्राचेर परिणाम जाता तरी गोंयभर पेट्रोल, डिझेल आनी द्रवीय पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) हांची पुरवण आनी वितरण अखंडपणान चालू उरतली. तेल कंपनींनी (ओएमसी) जारी केल्ल्या संयुक्त प्रेस विज्ञप्ती प्रमाण राज्यभरांतल्या टर्मिनल, डिपो, एलपीजी बाटली प्लांट आनी किरकोळ विक्री केंद्रांच्या विस्तारीत जाळये वरवीं इंधनाची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर तेल उद्देग पुरायपणान तयार आसा.

सगळ्या किरकोळ विक्री केंद्रांचेर इंधन वितरण कार्यावळ सुचारूपणान चालू आसा आनी थारायिल्ल्या सुरक्षेच्या आनी कार्यावळीच्या नेमांक खरपणान पाळो दिवन कसलेच निर्बंध नासतना पुरवण चालू आसा अशें कंपनींनी सांगलें. तेल कंपनींनी स्पश्ट केलां की पुराय पुरवण साखळींत पेट्रोलियम उत्पादनांचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा, आनी गिरायकांची प्रत्यक्ष मागणी कार्यक्षमतेन पुराय करपा खातीर स्टॉक परतून भरपाची प्रक्रिया चालू आसा. देशी गिरायकांक एलपीजीची पुरवणूय सामान्य आशिल्ल्यान पुराय गोंयांत सिलिंडरांची वितरण प्रक्रिया सुटसुटीतपणान चलता अशें निवेदनांत म्हणलां.

नागरिकांक उर्जेची अखंड पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर रसद, स्टॉक स्थिती आनी वितरण नियोजना विशीं लागींचो समन्वय दवरला अशें तेल विपणन कंपनींनी सांगलें. एकंदर इंधन पुरवण परिस्थिती स्थीर आसा आनी ताचेर सतत नदर दवरल्या अशें तांणी सांगलें. सदचे भशेन खरेदी चालू दवरची आनी गरजे भायर घबरपाची खरेदी टाळची अशें नागरिकांनी उलो मारला. इंधन उपलब्धताये विशीं विस्वासांत घेवपा सारकी आनी सत्यापीत केल्ली म्हायती मेळोवपा खातीर फकत कंपनींनी आनी सरकारी अधिकाऱ्यांनी जारी केल्ल्या अधिकृत सल्लागारांचेर आदारून रावपाची सल्ला भौसाक दिल्या.

Rashmi- 145

तिरुमल्ला तिरुपति मल्टीस्टेट को-ऑपरेटिव्ह क्रेडीट सोसायटी लिमिटेडच्या 13 राज्य फांट्यांक सरकारान कार्यकारी परवाने दिल्या, जांकां आदीं आरोपीक अनियमिततायेक लागून एनओसी रद्द केल्लs अशी म्हायती सहकार मंत्र सुभाश शिरोडकार हंणी दिल्या. ह्या बॅकीच्यो आनी तीन शाखा आसाताका मात परवान दिवन ना अशे तांणी म्हणला. राज्यात कांय क्रेडीट सोसायटीचो कारभारात घोळ आसा, तांचेर कारवाय सुरु आसा, कांय असा संस्थांचेंर प्रसासकुय नेमल्यात. लोकांच्या गुंतवणुकीच्य पैशांचो प्रस्न आशिल्लया कारणान सरकार ह्या विशयाकडे गर्भीयान पळयता अशी म्हायती मंत्री शिरोडकार हांणी दिल्या.

सहकार संस्था निंबंधक कार्यालयाकडल्यान पळोवणे वेळार कायदेशीर बाबी तशेंच नेम मोडुन व्यवहार जाता शए दिसुन आयिल्ले. मल्टीस्टेट कॉओपरेटीव्ह सोसायटीज एक्ट २००२ तशेचं केंद्रिय सहकारी संस्था निबंधकांनी जारी केल्या परीपत्रकाचे पालन करपाक ह्य संस्थेक अपयेस आयिल्ले ह्या पळोवणेत दिसुन आयिल्ले. हांतुन कायद्याप्रमाण गरजेचे आशिल्ले लेखापरीक्षित आर्थिक अहवाल सादर ना करप, परवाने दितना घातिल्लया नेमाचे उल्लंघन, तशेंच गैरकारभाराविंशी मनोटीस दिवन लेगीत सहकारी संस्था निबंधकामुखार कारवाय ना येवप अशो बाबी मुखार आयिल्लयो.

Rashmi- 126

पणजी महापालिके कडल्यान 2026-27 वर्सा खातीर 107.17 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पाक मान्यताय दील्या. ह्या अर्थीक वर्सा पणजेच्या उदरगतीच्या कामांचेर लक्ष केंद्रीत करतले. ऑटिसम आशिल्ल्या भुरग्यां खातीर पणजे एक खाशेलें केंद्र उबारपाचो विचार आसा अशी म्हायती पणजी म्हापालीकेचे आयुक्त क्लेन मदेरा हांणी दील्या.

म्हापालीकेन येणे बऱ्या प्रमाणात वसुल केल्ल्या कारणान हे फावट पणजी म्हापालीकेकडे अतिरीक्त निधी आसा अशे तांणी म्हणला. जाल्यार मार्केटातल्या कांय गाळे धारकांकडल्यान 25 रूपया येणे थकीत आसा अशी म्हायती तांणी दील्या.पोरू

अर्थिक वर्सात इंधनाचेर खर्च जावपी सुमार 1 कोटी रूपया म्हापिलीकेन वाचयल्यात,हे करतना म्हापालीकेच्या खंयच्याच कामाचेर परीणाम जांवक ना अशे तांणी म्हणला.

सुमार 25 कोटी रूपयाची भौशिक उदरगतीची कामा ह्या अर्थिक वर्सात पणजी म्हापालीकि करतली अशी म्हायती तांणी दीला. पणजी म्हापिलीकेचे मेयर रोहीत मोन्सेरात हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज पणजे म्हापालीकेची अर्थसंकल्पिय बसका जाल्या उपरांत ते उलयताले.

Subhash Jan- 166

जनगणना २०२७ चो पयलो पावंडो म्हळ्यार 'हाऊस लिस्टिंग ऑपरेशन्स' चो पयलो टप्पो गोंयांत येसस्वीपणान पुराय जाला. ही मोहीम १६ एप्रील ते १५ मे २०२६ मेरेन राज्यभर चालीक लायली आनी फुडले प्रक्रियेची वाट मेकळी जाली. हे जनगणनेचें मुखेल खाशेलपण म्हळ्यार इतिहासांत पयलेच खेपे ही डिजिटल नोंदणी प्रक्रिया राज्यभर खासा मोबायल ॲप्लिकेशन वापरून केल्ली. कर्मचाऱ्यांक हे नवे डिजिटल प्रणालीचो वापर सोंपें करपा खातीर प्रत्यक्ष मोहीम सुरू जावचे पयलीं प्रगणक कर्मचाऱ्यां खातीर एक विस्तारीत प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडली.

ह्या पयल्या टप्प्यांत मुखेलपणान राज्यांतल्या घरांची सध्याची स्थिती, कुटुंबांक मेळपी मुळाव्यो सुविधा आनी तांची मालमत्ता आनी साधनसुविधा हांचे विशीं सविस्तर म्हायती एकठांय केल्या. हे मोहिमेक म्हायती दितना संचालनालयान स्पश्ट केलें की ह्या टप्प्या वयल्यान एकठांय केल्ली म्हायती खूब म्हत्वाची आसतली आनी ही सांख्यिकी म्हायती राज्याच्या फुडाराच्या नियोजना खातीर, बऱ्या प्रशासना खातीर, मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास आनी वेगवेगळ्या सरकारी कल्याण येवजण्यांची प्रभावी अंमलबजावणी करपाक एक घट बुन्याद म्हूण काम करतली. जनगणनेच्या फुडल्या टप्प्याची तयारी सध्या पुराय नेटान सुरू आसा आनी ताचे संबंदी सविस्तर म्हायती आनी तारखां बेगीनूच जाहीर करतले अशें प्रशासकीय अधिकाऱ्यांनी सांगलां.

Sports- (91)

पणजी जिमखानान घडोवन हाडिल्ल्या बांदोडकार करंड क्रिकेट सर्तींत जिनो स्पोर्ट्स क्लबान साळगांवकार क्रिकेट क्लबाचेर 3गडी राखून जैत जोडीत सर्तींचें वस्तादपण जोडलें. निमणे खेळांत साळगांवकार क्रिकेट क्लबान पयलीं बेटींग करीत 20षटकांत 6गडी वगडावन 217 धावंड्यो काडल्यो जाल्यार तांकां जाप दितना जिनो स्पोर्टस क्लबान 3 गडी राखून 220 धावंड्यो काडीत जैत जोडलें. जैतीवंत जिनो पंगडाक 75 हजार रुपया आनी करंड हजार जाल्यार उपवस्ताद साळगांवकार पंगडाक 40 हजार रुपयांचें इनाम फावो जालें.सर्गींत शांतनू नेवगी,पुंडलीक नायक आनी योगेश कवठणकार हांकां खाशेलीं इनामां फावो जालीं. जैतीवंतांक स.दयानंद बांदोडकार हांचे नातू समीर काकोडकार हांचे हस्तुकीं इनामां भेटयलीं.

Weather- (33)

आयज हवामान खात्यान नोंद केला ते प्रमाण पणजेत चडान चड ३४.३ जाल्यार उण्यात उणे २६.९ अंश सेल्सियस तापमान नोंद जाला. मुरगावात चडान चड ३३.६ जाल्यार उण्यात उणे २६.२ अंश सेल्सियस तापमान नोंद जालां.

Announcement - 88

ही आसा एक कळोवणी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.